**मतदान आनी मतमेजणी केंद्रा भोवतणची हॉटेल्स, खानावळीं बंद दवरपाचो आदेश**

ता. 12 ऑक्टोबर 2022

उत्तर गोंयांतल्या रेईश मागूश आनी दक्षीण गोंयांतल्या दवर्ली आनी कुठ्ठाळी जिल्हापंचायत मतदारसंघाखातीर जावपी पोटवेंचणूकेच्या फाटभूंयेर 16 ऑक्टोबराक मतदानाच्या दिसा सकाळी 6.00 ते सांजेची 6.00 वरांमेरेन मतदान केंद्रां आनी 18 ऑक्टोबराक मतमेजणीच्या दिसा सकाळी 6.00 ते मतमेजणी सोपमेरेन मतमेजणी केंद्रा सरभोवतणच्या 200 मिटर वांठारांतली सगळीं हॉटेलां, रेस्टोरंटां, आस्थांपनां, बार्रां, च्याची दुकांना, पानशॉप, खानावळीं आनी अन्न जीन्नस विकपी धाबें, गाडे आनी हेर दुकांना बंद दवरपाचो आदेश उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यानी दिला.

तशेंच मतदानाच्या दिसा मतदान केंद्रांच्या सरभोवतणच्या 200 मिटर वांठारांत पाचापरस चड लोकांनी जमा जावचे न्हय वा गर्दी करची न्हय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/630

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji